सिम्फनी
माधव बोरकार

सिम्फनी

सिम्फनी

माधव बोरकार

२०१२

'सिम्फनी' हो म्हजो सातवो कवितां झेलो. ह्या झेल्यांतल्यो चडश्यो कविता एका विशिश्ट काळखंडांत बरयिलल्यो आसात. तेच प्रमाण म्हज्या कादेर्नांत आशिल्ल्यो १९७३ वर्सा बरयिल्ल्या कवितांचोय हांगा आसपाव केला. ह्या झेल्याक रूप दिवपी श्री० अमोल कामत, प्रुफां नदरे खाला घालपी म्हजे इश्ट श्री० दामोदर घाणेकार, चित्रकार श्री० अनंत श्रीधर कामत बांबोळकार हांचो खाशेलो उल्लेख करतां. तेच प्रमाण १९७५ सावन म्हजे कवितां झेले सोबीत रुपान येवचे म्हूण वावुरपी मौज प्रिंटिंग ब्युरोचे श्री० माधवराव भागवत हांचेय हांव उपकार आठयतां.

निमाणें गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती खात्यान आर्थिक पालव दिल्ले खातीर म्हज्या मनांत कृतज्ञतायेची भावना आसा. खात्याचे संचालक श्री० प्रसादबाब लोलयेंकार आनी तेच प्रमाण पालवी संचालक श्री० अशोक परब हांचे विशेश उपकार मानपाक जाय.

–माधव बोरकार

ग्रीन पीस हावसिंग सोसायटी
नागाळी, ताळगांव
गोंय ४०३ ००२

२१ सप्टेंबर २०१२

मांडावळ

नर्तकी ११
आल्बम १२
नदरेचे धांवेक १४
उद्‌गार १५
गाथा : १ १६
हात १७
गाथा : २ १८
तीन कविता १९
झाडां २०
जल्म २१
सोपूत २२
हांव २३
संदर्भ २४
राधा-कृष्ण २५
बांदून वाऱ्याचे चाळ २६
पेणी २७
दोन कविता २८
कांय खिणां खातीर २९
ब्रह्म ३०
कविता ३१
जिवीत ३२
प्रारब्ध ३३
खेळ ३४
दिली तुवें म्हाका वाचा ३५
चान्ने ३६
क्षेत्रां ३७
मळबाचे कांठ ३८
भास ३९
फुलता तरीय दीस ४०
तीन गाथा ४१
दुखव ४२
जिवीत रितें रितें ४३
कल्लोळ ४४
मेनका शिरोडकार ४५
दीस ४६
ऐल-पैल मिटून ४७
व्हिन्सेंट व्हान गॉ ४८
रेशा ५०
अंतर ५१
नदर म्हजी खणटा ५२
रांदनीतले इंगळे ५३
वसंत ५४
पुर्वज ५५
संचिताची भर ५६
दिसाचीं निमाणी किर्णां ५७
पावस ५८
जीण ५९
अभिसार ६०
स्पर्श ६१
टिंब ६२

स्वास ६३
भूंय ६४
पयल्या पावसांत ६५
अनंत ६६
सांज ६७
चान्ऱ्याचे कोंब ६८
गांव ६९
कविता ७०
सपनां ७१
रगतांतलो कैफ ७२
त्रिपदी ७३
झाडा खातीर कांय वळी ७४
त्रिपदी ७५
कांय वळी ७६
तुजें काळजा कुळार ७७
वाट तुजी ७८
तुज्या ध्यानांत म्हाकाच ७९
स्वास ८०
मोगरी ८१
नदर ८२
कवन ८३
माड ८४
घर ८५
काळ ८६
कविता ८७
वंय ८८
खिणचित्रां ८९
गर्भवास ९०
धागे विणटना ९१
चित्र ९२
नवी कविता ९३
खोल ९४
माळ ९५
उतरां ९६
त्रिकाळ ९८
त्रिपदी १००
दिवे १०१
कविता आसता १०२
सांजवेळ १०४
वारो १०५
सपन १०६
गात्रां १०७
कोणें तरी १०८
म्हजी कविता १०९
समेर येवप तसो ११०
रेंब्रां : न्हाणा उपरांत १११
न्हंय ११२
उटकमंड ११४
केळीचें पान ११५
तूं ११६
सपन ११७

नर्तकी

१
नर्तकी
एखाद्या चक्रदार परणाचो
भोंवर मारून
समेर येतना
मोन्या उतरांचे वाटेर
मोडण येता
नव्या अर्थाचें.

२
त्रितालाच्या ठेक्यार
तिचीं पावलां
नाचतात अळंग
तळ्याच्या आंगार
पावसान
कविता बरयिल्लेवरी.

थिरूर
२ मार्च ०२

आल्बम

पोरण्या फोट्यांचे आल्बम आसतात
आत्मचरित्राच्या पानां भशेन
हो एक फोटो
सगल्यांत पयलो वयलो
सातव्या आठव्या म्हयन्या वयलो जायत
हांव पोट ओडूंक शिकतालों तेन्नाचो
दुसरो एक
मातसो व्हडपणांतलो
बोल्साक पॅन आशिल्लो.
मागीरचे फोटे म्हज्या दोन भावंडां बाराबरचे
आमचें कुटुंब ल्हान आशिलें तेन्नाचे
मदले कांय फोटे वयार आयलों
तेन्ना आयडॅण्टिटी खातीर
स्टुडियोंत काडिल्ले
धवेफुल्ल
सावळेच्या काळखाची खोलाय नाशिल्ले
ओंठार अडेचो हांसो हाडिल्ले
फोटोग्राफरान स्मायल प्लीज
म्हणलें म्हणून.
मागीरचे कांय फोटे
आमच्या लग्नांतले
जंय तूं उबी
म्हज्यांत म्हजे
लजेच्या अवगुंठनांतली.

आनीक कांय फोटे ते उपरांतचे
आमकां खांदयो फुटल्यो तांचे
वेगळ्यावेगळ्या प्रसंगांचे...

एक फोटो मात म्हजो
सोदुनूय खंय दिसना म्हाका
आमचे पयले भेटेंत
तुवें दोळ्यांनी काडिल्लो...

थिरूर केरळ
२ मार्च ०२

नदरेचे धांवेक

पानांची सळसळ
तशे म्हजे स्वास
उमजता दोळ्यांक
सपनांचे भास.

काळजाच्या कांठार
झुकिल्लो चंद्रीम
नदरेचे धांवेक
ना मेर ना शीम...

ताळगांव
१० मार्च ०२

उद्‌गार

१
तुजें नांव-गांव
विचारीत आयिल्लीं
हीं भिरीं
खंयच्या परगांवांतल्यान
आयल्यांत काय?

२
उतरां काळीज लिपयता
काय दाखयता?

ताळगांव
१२ मार्च ०२

गाथा : १

१
तळ्याक वळसो घालीत
वचपी वाटेर
उदेल्ल्यो
कोणाच्यो ह्यो पावलां कुरवो?

२
घराच्या पाख्या वयलें
चोंची-चोंचींतलें
पारव्यांचें मिथून
करता म्हाका खूण

३
होंवरेंतलीं कोण एक
यक्षीण आनी यक्ष
विळख्यांत एकामेकांच्या
भोगीत खिणां लक्ष लक्ष

ताळगांव
१४ मार्च ०२

हात

तुजे नाजूक सुरंगां हात
हातांत आसताना
कोण जाणा कश्यो
दिठयेच्यो वाटो
दिको विसरतात.

पणजी
१४ मार्च ०२

गाथा : २

१
परमळटा रंद्रांनी
चंदनाची उटी
ओथंबता रात तितली
आनीक घट्ट मिठी

२
न्हालूया केंसांचो
मानेर सदळसो आंबाडो
चिप्प भिजिल्ली भूंय
ओलो परमळाचो सडो

३
काळखाच्या गांवांक
चान्ह्याचें नांव
तुजे मुखार कशें लावं?

ताळगांव
१४ मार्च ०२

तीन कविता

१
उचांबळ मन
घुलो आयिल्लें आदन

२
दुख्खाचें मर्म
कळत कशें
चान्ह्यांत भिजून
ओलें उशें

३
केळी बनांतलो वारो
पांचवो शिरशिरो
तसो आंगभर
सतारेचो सूर...

ताळगांव
१७ मार्च ०२

झाडां

१
तळ्याचे देगेर
झाडां ओणवीं
सांडिल्लीं रुपां
सोदीत आपलीं

२
केन्ना आनी कशी
फुटत झाडांक भास
उकत्या खांदयांर
वसंताची आस...

ताळगांव
१६ मार्च ०२

जल्म

जल्म सुटका
मर्ण सुटका
मदल्यो घटका
कोणा खातीर

खिणान खिणां
स्वासाचींच रिणां
कळंतरा पावना
सगली जीण...

ताळगांव
२० मार्च ०२

सोपूत

घालून सोपूत
मोडपीय तूंच
दवरूं कसो तुजेर विस्वास?

कुशींत तुज्या
बुडटां बुडटां
चोरले वाऱ्यान सगले स्वास...

ताळगांव
२१ मार्च ०२

हांव

रानांत सळसळपी वारो
तसो उलयतां हांव म्हजेच कडेन
वतां व्हांवून पैल तनरेंतूच
तड नाशिल्ल्या म्हज्या मना कडेन

उदेतां हांव दोंगरावळीं आड
जसो काळखांत सुर्याचो कोंब
धरून किर्णांचो हात जाता
कुसव्यांतल्या दिसाचो आरंब

फुटून पांखां घोंटेरांतल्या भिऱ्यांक
उबतात हुपून मळबाचें सपण
उदेतना म्हज्यांतल्यान नव्यान हांव
पांगुरतां अनंताची निळी खूण...

ताळगांव
२१ मार्च ०२

संदर्भ

सांजवेळा
घोंटेराचे वाटे वयल्या
सवण्यांच्या गितांक;
माडांबांदांनी उदेलूया
पुनवेच्या चंद्राक;
चान्ह्याचे भरतेन
शिरंतरांनी उसळपी
रक्ताक;
आपलोच थाव सोडिलूया
पाणया वरी
अदिकूच खोल जायत वचपी
रातीक;
म्हजे जिणेकूच अख्खे
आसा आयज
एक वेगळो संदर्भ
तुका लागून.

२२ मार्च ०२

राधा-कृष्ण

कानो मात्रा तोपी
आनी प्रस्नचिन्न
गोपीं वांगडा होरी
खेळटा राधा-कृष्ण...

ताळगांव
२५ मार्च ०२

बांदून वाऱ्याचे चाळ

बांदून वाऱ्याचे चाळ
नाचता मदनगोपाळ

घुंवता मळब
घुंवळटा दिको
धोलतां नादांत
गोपी एक सारक्यो
जाता सुरांत एक
आतां लय आनी ताल

गेलें हांव-तूंपण
सगलें विसरून
रावता कृष्ण व्यापून
राधेचो कणान कण
नाचतां नाचतां
थांबता समेर काळ...

पणजी
२६ मार्च ०२

पेणी

मनाचे फास्केंत
उबी सांजवेळ
तिका अवेळ
म्हणचें न्हय

हांबेता गोठ्यांत
आमोरेची गाय
काळजार साय
काळखाची

पयसांत जाली
दिव्यांची होरावणी
दिठयेंत पेणी
उजवाडाचीं...

ताळगांव
२६ मार्च ०२

दोन कविता

१
थरथरता पाणयार
दिव्यांचीं टिंबां
म्हजींच पडबिंबां...

२
कोरून वाऱ्यार
वता कुरू
देशांतराचें तारूं...

पणजी
२७ मार्च ०२

कांय खिणां खातीर

कांय खिणां खातीर
घेतिल्ली ही कूड
सवण्यांनी झाड
राबित्याक

सरतकच काळ
वतात सवणीं उडून
सगले झडून
ऋणानुबंध

कळत काय कोणाक
ह्या चक्राचें कुवाडें
जिवीत थोडें थोडें
सोंपतना?

ताळगांव
३१ मार्च ०२

ब्रह्म

चित्रावंक येना
काळाचो कॅनवास
तरी मनाक ध्यास
अज्ञाताचो

लागता खर अशी
अज्ञाताची ओड
सुटना गूढ
अव्यक्ताचें

अव्यक्ताचें जरी
गूढ सुटना
दिठयेंत मावना
ब्रह्म...

ताळगांव
३१ मार्च ०२

कविता

रंगिले
कुपांचे खंड
अस्तंतेच्या किर्णांनी
तुजे पोलेच जशे
तांबशे तांबशे
म्हज्या ओंठांचे खुणांनी...

ताळगांव
१ एप्रील ०२

जिवीत

कितल्यो मुरल्यो कथा
फेणेर फुलांच्यो व्यथा
उबें जिवीत एक
जैत हारींची गाथा.

ताळगांव
२ एप्रील ०२

प्रारब्ध

वतां सोदी सोदीत
अनवळखी गांव
मांडीत नवे डाव

न्हंयेचे देगेर
उबें व्हडें स्तब्ध
म्हजेंच प्रारब्ध...

ताळगांव
३ एप्रील ०२

खेळ

१
आपालिपाच्या खेळांत
हांव
ज्युस्त वळखतालों
तुज्या बोटांक
जसो अर्थ उतरांक...

२
आपालिपाच्या खेळांत
तूं
अचूक म्हाकाच
सोदून काडटालें
म्हज्या स्वासा लागीं
अडटालें...
२
आपालिपाच्या खेळांत
हांव
तुज्या दोळ्यांचे देगेर उबो
तुज्या काळजाचो माग काडीत.

तुजी वाट मात म्हाका गावलिना
तुज्या काळजा मेरेन पावलोंना.

ताळगांव
४ एप्रील ०२

दिली तुवें म्हाका वाचा

दिली तुवें म्हाका वाचा
उतरांच्या नवसान
दिली तुवें म्हाका काया
दिश्टाव्याच्या स्पर्शान

तुजे सासायेची कुरू
हें कुडींतलें त्राण
दवरला तुजे खातीर
उखलासून प्राण...

ताळगांव
४ एप्रील ०२

चान्ने

चान्ने तळ्यांत बुडटा
चान्ने दोळ्यांत दडटा
चान्ने मोगरे माटवार परमळटा
चान्ने खुरसार तळमळटा.

चान्ने राधेच्या मनांतलें
चान्ने कृष्णाचे बांसरेंतलें
चान्ने दोंगर गाळींतलें
चान्ने कोंड्या आळींतलें

चान्ने सावळ्यांचो उटंगार
चान्ने वाऱ्यार ल्हारेलें सपनांचें ल्हार
चान्ने म्हजे कवितेचो भार
चान्ने भितर खोल वाजपी सतार

चान्न्याक दुकांनी भिजूं दी
चान्न्याक सुखांनी रुजूं दी...

४ एप्रील ०२

क्षेत्रां

उबी जीण
हुंवारिल्लें पात्र
म्हजें गात्र गात्र...

दिठयेंत
उजळिल्लीं नक्षत्रां
जल्मांजल्मांचीं क्षेत्रां...

ताळगांव
५ एप्रील ०२

मळबाचे कांठ

येता पावलांत
नागमोडी वाट
म्हजी शेणिल्ली नाट

हुपता नदर
चक्राकार घांट
मळबाचे कांठ...

पणजी
६ एप्रील ०२

भास

मेजचे न्हय केन्नाच
घेतिल्ले स्वास
सुस्काऱ्यांची भास
वळखुची...

ताळगांव
८ एप्रील ०२

फुलता तरीय दीस

ओंपिल्लें पोशांत
दिसाचें दान
मिटिल्लें दोळ्यांत
किर्णांचें रान

सोंसता दुख्ख देंठ
फळाचे आशेन
फुलता तरीय दीस
कळये भशेन...

ताळगांव
८ एप्रील ०२

तीन गाथा

१
घेवन हातांत हात
सांगली तुवें काणी
एक म्हजी, एक तुजी
युगांची अथ्रेकणी.

२
वळखतात तुका
भरिल्लीं कुपां
ओखेतात पाणयांत
तुजींच रुपां.

३
जेश्ठ आशाढाच्यो दडको
आडायतात म्हजी वाट
आसता सांतेक वतना
भरिल्लोच माथ्यार माठ...

ताळगांव
९ एप्रील ०२

दुखव

दुखव कितें तें केन्ना कळ्ळेंना
जे मेरेन तूं म्हाका मेळ्ळेंना
आयज दुखव कळटा
जीण सुखांत फळटा

पणजी
९ एप्रील ०२

जिवीत रितें रितें

काळोख कुबेर
नक्षत्रांचो धनी
ओंठांतलीं गाणीं
उजवाडाची.

उजवाडाक ना
अंत आनी पार
जाता उकतें दार
अनंताचे.

अनंताचें दार
आतां उकतें उकतें
जिवीत रितें रितें
भरतना.

ताळगांव
१० एप्रील ०२

कल्लोळ

खुंटले व्हंटयेंत
सगले भोळे कळे
शिंपले करपल्ले मळे
मनाचे.

जाता मनाक
उदेंतेची उमळ
परमळाचो कल्लोळ
दिकांपार...

ताळगांव
१० एप्रील ०२

मेनका शिरोडकार

स्नेहमंदिरांत खाटीर
एकलीच बशिल्ली मेनकाबाय
ओडून पोटा लागीं पांय
आठयत गेल्लो काळ
यादींच्या अटंग रानांत
पेटिल्लो हुलप...जाळ.

ती गायता विसरून भान
देसकार
'हूं तो तोरे कारन रैन जागी'
सुरांक फुटून
काळजाक घायाळ करपी धार
ती दिता पोसो भरुभरून
काफी कानड्याचें सूख
तिज्या प्राणाची प्रार्थना आसता
सावनीची बंदीश.

तेन्ना
नासतात त्यो स्नेहमंदिराच्यो
निखट्यो चार वणटी
त्यो जातात
शांतादुर्गेची गर्भकूड
सुरांच्या अभिशेकान
तुडुंब भरिल्ली...

ताळगांव
११ एप्रील ०२

दीस

१
उदेलो
धरतरे वयलो पयलो दीस
आशिल्लो
तुज्या कुसव्यांतल्यान
हांवें
पळयिल्ल्या पयल्या
दिसा वरी...

२
दिसाची सावळी
पावता लांब
थंयच थांब...

ताळगांव
१३ एप्रील ०२

ऐल-पैल मिटून

हुंदडपी वासरूं
दोळ्यांतलें पाणी
ओंठांतलीं गाणीं...

काळजाचो बांद
व्हांवता फुटून
ऐल-पैल मिटून...

ताळगांव
१४ एप्रील ०२

व्हिन्सेंट व्हान गॉ

१
आपल्या पेल्यांनी
पयस सारिल्लीं नातीं
समेस्तांनी
न्हयकारिल्ली जीण;
तळपट्या सड्यावरी
सावळे खातीर
एकूय झाड नाशिल्ले
वसाड वाटेर
भर दिसाचे मध्यानेर
कडपी सुर्याच्या
उग्र भगभगांत
हुलपल्लीं
तुजीं अनवाणी पावलां
तरी तुज्या दोळ्यांत
उदेत रावलीं सूर्यफुलां.

२
कितल्या जल्मांचीं पातकां
म्हणून
तुजी स्त्राप जाली
उबी जीण
रंगांचो उस्त्राप मेळिल्ली.

३
नक्षत्रांनी भरिल्ली रात
चितारतना
तुवें रकयले
रित्या कॅनवासार
जिणेंतले सगले
काळे निळे
किणेल्ले रंग

४
आखवो अवकाश वेंगावपी
तुज्या चित्रांतलो सायप्रस
तुजो अनंत भेदपी वसवस.

ताळगांव
१४ एप्रील ०२

रेशा

रेशा म्हज्या तळहाता वयल्यो प्राक्तनाच्यो वाटो
रेशा पांचव्या पानां वयल्यो फागुरिल्लयो शिरो
रेशा शांत तळ्याच्या पाणया वयलो शिरशिरो
रेशा गच्च रानांत शेणिल्लो गुणगुणपी वारो.

रेशा कसल्याश्या करूण रागाच्या सुरांचें आलापन
रेशा तुज्या देहाचें रेखिल्लें लयदार वळण
रेशा तुज्या ओंठां वयलो हयन्हयसो हांसो
रेशा पावलां कडेन सळसळपी ल्हारांचो घसघसो.

रेशा पांचव्या दोंगरांचे आरोह अवरोह
रेशा घाटां वाटांचे स्फुरिल्ले नागमोडी स्वर
रेशा कुपां वयली चकचकपी जोगलांची वेर
रेशा म्हाका खुणावपी मळबाची मोनी मेर...

ताळगांव
१५ मार्च ०२

अंतर

मेजिना हांव
केन्नाच
तुजे म्हजे मदलें अंतर

आमी वेंगायला
काळ आनी अवकाश.

ताळगांव
१८ एप्रील ०२

नदर म्हजी खणटा

नदर म्हजी खणटा
काळखाची बांय
लागना तरीय तिजो
तळाचो ठाय.

नदर म्हजी विणटा
अज्ञाताची वाट
वतना धारेर दिसाक
उजवाडाची फाट

नदर म्हजी शेणटा
कोणाल्या गांवा
पयस पलूचांच्या पेण्यांक
नक्षत्रांचीं नांवां...

पणजी
२० मार्च ०२

रांदनीतले इंगळे

रांदनींतले इंगळे
म्हजें जळपी दुखव
दोळ्यांतलें सूख
चान्न्याचें.

२१ एप्रील ०२

वसंत

कोण सांगता
वसंत सरलो म्हूण?
कोगळा गिताक तर
अजून धार आसा
तुज्या दोळ्यांतले पुनवेक
जोरगतीचो भार आसा.

ताळगांव
१ मे ०२

पुर्वज

गेल्यात आमचे सगले पुर्वज
हे ओंवळी मुळांतल्या गांवांत
पळोवंक ना कोणें
तांचीं परत आयिल्लीं पावलां
तरी दिसतात तांच्यो कुरवो
खांदया खांदयांनी
विस्तारत गेल्ल्या
वडाच्या पानापानांनी
भुंयेचो खोल घांस घेतिल्ले
मुळामुळांनी
गर्भकुडींत तेंवपी
लामणदिव्याच्या जोतीनीं
आमच्या
शिरंतरांतल्या रगता
थेंब्याथेंब्यांनी...

बोरी
२४ मे ०२

संचिताची भर

एकाच दांत्याच्यो
आमी दोन पावो
जिणेक अर्थ नवो
दळटना.

दळटां सूख दुख्ख
सांडटा खाला साकर
वेंचून थोडी व्हर
मुंये रुपान

खावंची मुंये रुपान
हांगा थोडी साकर
संचिताची भर
तेन्नाच जाता.

ताळगांव
७ जून ०२

दिसाचीं निमाणी किर्णां

दिसाचीं निमाणीं किर्णां
दोंगर गाळींनी दाट मातिल्लो काळोख कश्या
तुज्या केंसांतल्यान परततना
तुवें म्हाका
आमच्या नात्याचो संदर्भ सांगिल्लो.
आनी मागीर
आमच्या उचांबळ मनाचे उमाळे
देगेर ल्हारां जावन फुटिल्ले
आमच्या
एकामेकांत गुंथिल्ल्या हातांक
माडांनी उदेल्लो चंद्र
गवाय जाल्लो
आनी
पावलां खाला फुटिल्ल्यो
अवजाळी वाटो
धायदिकांनी उधळिल्ल्यो.
आयजूय
जेन्ना जेन्ना पडटा दीस
आनी आनारून येतात दोळ्यांत दिको
तेन्ना दिसता
तूंच म्हज्या म्हज्यांत उबी
तुज्या काळखा येद्या हातांनी
म्हाका
तुज्या काळजा लागीं घट्ट वेंगावन...

२६ जुलय १९८३
९ जून २००२

पावस

झिरीमिरी पावस
मोरा पांखांर
मोतयांची रास
झडटा दुखांर.

झिरीमिरी पावस
सुक्या सड्यार
चडटा पाचूची ओप
हळडी आंगार.

झिरीमिरी पावस
मना भितर
उमळून येता तशी
भुंयेत झर...

आल्त पर्वरी
२० ऑगस्ट १९९१

जीण

षड्ज ते निशादा मेरेन
वचपी सुरांचें वळण
रेखता म्हजी जीण
वाटे वयलें अद्दश्टाचें आड मोडण
जोखता म्हजी जीण
घालीं कितलीं कुवाडीं
तांच्यो मेळ्ळ्यो नात जापो
सोदतां सोदतां नाट म्हजी
कितल्यो हांगा घाल्यो खेपो
वाटोच जाल्यो आरत्यो परत्यो...

खिणा खिणान सरता जीण
रिणा रिणान भरता खीण...

ताळगांव
११ जून ०२

अभिसार

माथ्यार बिंदलो
भरिल्लो न्हंयेचो कांठ
व्हांवली पावला खाला
तुज्या घराची वाट.

जालीं उतरां मोनीं
काळोख घनदाट
पयस पेटपी दिव्यांची
सावळेक फाट.

मळबांत काळोख
नक्षत्रांचो अभिसार
मेळना म्हाका म्हजें
शेणिलें घरदार...

ताळगांव
१३ जून ०२

स्पर्श

बांसरेक
अळंग तेंकयिल्ले ओंठ
तसो
तूं जायजायसो;
म्हज्या सर्वांगार
फुलारून आयिल्लो
तुजो स्पर्श
काळजांत
तुडुंब भरून राविल्लो
सूर कसो...

ताळगांव
१३ जून ०२

टिंब

आडव्यो शेतांत
माडांबांदाच्यो वळी
वता अस्ताक सुर्या
फाटीं दोंगरगाळी.

शांत...स्तब्ध तळें
वयर चंद्र बिंब
कवितेक अशें
एक फुटिलें टिंब...

ताळगांव
१३ जून ०२

स्वास

भरून आयिल्ली खांदी
झडटा फुलान फूल
तुजे म्हजे मदले
विरगळ्ळे कितले पूल.

एका एका फुलान
भरता रितो पोसो
स्वास तुजो-म्हजो
उश्ण रान वारोसो...

ताळगांव
१४ जून ०२

भूंय

नांगरिल्ली भूंय
आनी ओंपिलें थाम
दिसना हांगा थंय
म्हजो लिपिल्लो श्याम.

तानेल्लो जेश्ठ तशी
भुंयेची अध्रेकणी
कणाकणांत तिच्या
तप्त आशाढ काणी.

तप्त आशाढ काणी
आकूळपिकूळ भूंय
कृष्ण अवजाळी पोर
रावला दडून खंय...

ताळगांव
१४ जून ०२

पयल्या पावसांत

ह्या पयल्या पावसांत तुजी याद आयले बगर कशी
रावत? तुज्या केंसांचीं दाट काळीं मोवळां कशीं
मळबभर मांडत वचपी कुपां आनी उटंगारांची दडक
कोसळून गेले उपरांत पानापानांच्या अग्रां वयल्यान
निस्तुपी एका एका थेंब्या वरी म्हजो निरोप घेतना
तुजे भरून आयिल्ले तुडुंब दोळे कसो विसरन हांव?
ह्या पयल्या पावसांत...

मंगळूर
१२ जून १९९७

अनंत

अनंत काळ
अनंत अंतराळ
अनंत काळोख
अनंत वळख
अनंत तुजी वेंग
अनंत दोळ्यांची देग
अनंत तुजो मोग
अनंत इंद्रियांचो भोग
अनंत दर्यांचीं ल्हारां
अनंत मिणटां वरां.

अनंत अनंताक कळटा
अनंत अनंताक मेळटा...

ताळगांव
१५ जून ०२

सांज

सांज
तुज्या निरोपाच्या
उदास
कोरिलूया चेऱ्याची...

सांज
म्हज्या रितेपणांत
भरून
राविलूया सुस्काऱ्यांची...

१५ जून ०२

चान्ऱ्याचे कोंब

कळये कळयेंत
पोसवता जल्म
संचिताचें आयज
आकळटा मर्म.

धरता म्हजी दीठ
काळखाचो गर्भ
आसता दिसाक
सुर्याचो संदर्भ

पांचवी पालय
झडिलूल्या झाडांक
चान्ऱ्याचे कोंब
पालेलूल्या हाडांक...

तांळगांव
१५ जून ०२

गांव

फुलांतल्या कोशा वरी
म्हज्यांतूच हांव मग्न
आसूं मागीर कितलोय
भोंवतणीं काळोख भग्न.

घेतल्यांत मिटून हांवें
मनाचीं सगलीं दारां
आयुश्याचे वाटे वयलीं
अनवळखी परकी घरां.

सोदीत कांठ नदरेचे
बुडलां म्हज्यांतूच हांव
सोंपत खंय भोंवडी म्हजी
अजून कितलो पयस गांव...

ताळगांव
१६ जून ०२

कविता

१
करतां उकतीं हांव
म्हजे कवितेचीं पानां
जसो फुलयता पाखो
आपलीं पांखां.

२
परतितना
जिविताचीं पानां
दवरतां हांव
मदीं मदीं
एक एक कविता
खुणे खातीर.

ताळगांव
२२ जून ०२

सपनां

फांतोडेर
म्हज्या पोरसांतल्या
झाडांचे ताळये ताळयेर
हांवें
रातीचीं सपनां म्हजीं
फुलतना पळयलीं...

ताळगांव
२९ जून ०२

रक्तांतलो कैफ

तुज्या गांवांत एक
तुटून झडिलें नक्षत्र
उतरान उतर तुजें
न्हंयेचें भरिलें पात्र.

उदेता अस्तता चंद्र
तुजे भेटेचे आशेन
रक्तांतलो कैफ
दर्याच्या गाजा भशेन...

ताळगांव
३० जून ०२

त्रिपदी

१
दोळ्यांक दशिल्लो
बावल्यांचो काळोख
रातीक ओंपिल्लो.

२
देंठा भोंवतणीं
गुंथिल्ल्यो पाकळ्यो
कितल्यो मन मेकळ्यो!

ताळगांव
१ जुलय ०२

झाडा खातीर कांय वळी

१
झाडाची मुळां
रिगतात पाताळांत
ओलसाणीच्या सोदांत
आनी झाड अनंतांत

२
झाडाक कळूंक जाय आशिलें
एक दीस
भिऱ्यांक पांखां फुटून
तीं उडून वतलीं म्हूण
तरीय
झाड पळयता वाट
शिशिरा उपरांत येवपी वसंताची.

३
झाड चान्ऱ्याचीं फुलां माळटा
तळ्यांत आपल्याकूच ओखेता.

१ जुलय ०२

त्रिपदी

१
तुजे मोनेळीचो
लायतां हांव अर्थ
जसो कवितेचो.

२
रुखातळा सावळ्यांनी
सांडिल्लीं चंद्र किरणां
भुंयेचीं अवेळ न्हाणां.

३
काळखाची सावळी
रावली दोळ्यांत
जावन बावली...

ताळगांव
६ जुलय ०२

कांय वळी

१
ह्या कादेर्नाचीं
रितीं पानां
म्हणल्यार
हांवें बरोवंक नाशिल्लयो कविता.

२
ल्हारां
हांसतात
किटकिट्टात
खोशेन नाचपी
ल्हान भुरग्या वरी
ताळयो पेट्टात.

३
दर्याचो गाज
मनांत वाजता आज.

४
पत्रा खाला
तुजी आशिल्ली सय
मळब हुपून
परतल्ल्या
भित्र्यांचे वळीची लय...

ताळगांव
१९ जुलय ०२

तुजे काळजा कुळार

आशाढाच्यो धारो
ओली मना माती
तुज्यो म्हज्यो राती
काजुल्यांच्यो.

तुज्या केंसांत मोगा
पोरसूं एक फुलूं
परमळान भरलां
काळीज म्हजें.

रेखली तुवें वाट
हळडीच्या पावलांनी
तुज्या पोशांतलें पाणी
खोल जालें.

आनंदाक ना थंय
अंत आनी पार
तुजें काळजा कुळार
मेळळें म्हाका.

मंगळूर
१ नोव्हेंबर ९४

वाट तुजी

याद तुजी मनांत म्हज्या फूल कशी परमळटा
जीण म्हजी तुज्या एका उल्या खातीर तळमळटा

गेलें उडून पारव्यां जोडें
गेलें उबून कुपां भिरें
पयस वाऱ्या ल्हारार पदर तुजो सळसळटा.

मळबांत कोर बियेची
चिरी तुज्या कुकमाची
परत परत कित्याक म्हाका ओड अशी लायता.

पयस तूं आनी पयस हांव
तरी काळजा लागीं गांव
वाट तुजी जावन वात दोळ्यांत म्हज्या जळटा..

मंगळूर
१ नोव्हेंबर ९४

तुज्या ध्यानांत म्हाकाच

म्हज्याच मना कल्लोळांत बुडटां हांव
तुज्याच गांवा मळबांत उडटां हांव

पूर्ण चंद्र पुनवेचो तुज्या ओंठांचो
किर्णांच्या हांशा आड दडटां हांव.

परमळाची फुट्टा भास फुलांचे कायेक
वाटेर तुजे पाकळ्यो कसो झडटां हांव.

सादता मनांत तुजेच उल्यार उले
तुज्या ध्यानांत म्हाकाच सोदतां हांव...

मंगळूर
१९ नोव्हेंबर ९४

स्वास

सुके रखरखीत मातयेक आशाढ दडकां न्हाण जाय
मातयेचे रेंवट कायेक अत्तर फुटूंक जाय
अंदून बंदी जालें काळजाच्या कवडां भितर म्हजे स्वास
धाय दिको परमळावंक फुटून पांखां उडून वचूंक जाय...

पणजी
३ एप्रील ७३

मोगरी

पोरसांतले मोगरेर चान्ह्याच्यो वाती
घेतल्यो खुटून व्हंटयेंत फुलांच्यो राती.

चान्ह्याचो भार न्हालूया दिसांच्या केंसांत
प्राणाचो परमळ जायां जुयांच्या स्वासांत...

पणजी
९ मे ७३

नदर

मोरपांखी पदर
सकयल सोड
घट्ट कांचोळेर
नदर जड...

पणजी
१८ जून ७३

कवन

गायता आल्लय पावस
मंद अळंग सुरान
सळसळटात पानां
सपनांतल्या वाऱ्यान.

पाणयार ल्हारांची नक्षी
भितर भिजिल्लें मन
पिकलो दोंगरांनी चंद्र
ओलें धरतरेचें कवन...

ताळगांव
१५ ऑक्टोबर ०२

माड

आमोरेच्या
काळखांत बुडिल्ले
बांदा वयले माड
दिसतात
चित्रांत रेखिल्ले
काळे काळे थिपके करो
म्हज्या मनांतल्यो
काळख्यो राती पिल्ले...

ताळगांव
१५ ऑक्टोबर ०२

घर

भरिल्लो काळोख दोंगर गाळींनी
उजवाडाचीं केणां वळीवळींनी
सांवरना असो कसलो भार
हालता वाऱ्यान अद्दश्टाचें दार.

अद्दश्टाचें दार जाता आतां उकतें
दिसलां दिठयेक घर तुजें निकतें...

ताळगांव
१९ ऑक्टोबर ०२

काळ

घालून ताळी
मेजतां काळ
वाजता ताळ
खिणांचे.

घालून ताळी
सोदतां सम
काळाचो क्रम
कळना.

कळना जरी
काळाचो क्रम
तोच त्रिविक्रम
सर्वज्ञु...

ताळगांव
१९ ऑक्टोबर ०२

कविता

सावळ्यांची नक्षी
पानांफुलांची लिपी
वझऱ्याची गुणगूण
मानीच्या बेटांनी
चाऱ्यांत
सळसळपी वाऱ्याचो सूर
आसता
एक आगळी कविता...

फोंडें
१९ ऑक्टोबर ०२

वंय

फुलांच्या पावसांत
भिजली चिप्प माती
जाली गंधवती
भूंय आतां.

जाली गंधवती
गात्रागात्रांत भूंय
घालूं कशी वंय
परमळाक...

मंगळूर
९ ऑगस्ट ९५

खिणचित्रां

१
भिरभिरत पाखो
पानार बसता
आनी चित्र जाता...

२
पांचवें पांचवें
पांगुरचें शेत
आंगार वतां घेत...

पणजी
२४ ऑक्टोबर ०२

गर्भवास

जुळना यमक
आनी अनुप्रास
दिशिल्लो सोंपलोसो
म्हजो गर्भवास...

ताळगांव
२७ ऑक्टोबर ०२

धागे विणटना

धागे विणटना
घुसपलूल्या मनाक
तूं नाका उसोवं

मात भितर अटंग्या रानांत
अवेळार
कोगळान आळयिल्लो
काळीज कोंचपी सूर
तूं आयकत राव...

पणजी
२४ ऑक्टोबर ०२

चित्र

भिरें परतलें
वाट चुकिलूं
चंद्रबिंब एक
तळ्यांत लकिलूं....

२ नोव्हेबर ०२

नवी कविता

नवी कविता
बरोवन जातकच
कवीक खबर नासता
मुखा वयली कविता
कशी आसतली ताची.

तशें पळयल्यार
अनवळखी वाटेर
येवपी गांव
तरी आमकां
खंय खबर आसता?

नवी कविता
बरोवन जातकच
जाता कविचें मन
पुशिल्ले पाटये वरी
रितें
परत नवी कविता
उदेवचेली
वाट पळोवपी...

ताळगांव
५ नोव्हेंबर ०२

खोल

आटली बांय जरी
उरता तळाक ओल
ओलो मातयेचो बोल.

भोंवरो पाणयाचो तरी
सांवरता कसो तोल
कितलें काळीज खोल...

ताळगांव
५ नोव्हेंबर ०२

माळ

सरता सुकती
चडटा भरती
पांचवी पालय
झाडांक निकती.

सरता खिणां
भरता काळ
सरून सरना
दिसांची माळ...

पणजी
८ नोव्हेंबर ०२

उतरां

१
उतरां
चलतात
वळींचे सरयेर
अळंग
अर्थाचो तोल
सांवरीत...

२
विजेचे सरयांचेर
भिरीं बशिल्लीं
जशीं वळींतलीं उतरां
एकामेकांत गुंथिल्लीं...

३
उतरां उतरां
मदले विराम
म्हजे गेल्ले जल्म.

४
फेडटात उतरां
नवस अर्थाचो
जाता जल्म कवितेचो.

५
उतरां
वाटो अनंताच्यो
म्हजे जिणेक फुटिल्लो...

ताळगांव
९ ऑक्टोबर ०२

त्रिकाळ

सपनांचे हुपून पार
जाग आयिल्ल्यो दिको
ओथंबून रात
सदळ जाल्ली मिठी
आंगणांत
झडिल्लो पारजताचो
परमळांत भिजिल्लो सडो
शांत दोळ्यांत
सांडिल्ले उदेंतेचे रंग
साळका तळ्यांत
फांतेल्ली सकाळ...

२
रंद्रांरंद्रांनी भगभगपी
इंगळ्या वरी सुर्या
शेतां मदल्यान वचपी बांदांनी
माडांतळा स्तब्ध सावळ्यो
एकूय पान हालना
असो थांबिल्लो वारो
भोंवतणीं गोठेवन राविल्ली
किण्ण मोनेळ.
रावता उबी
दनपार
तळ्यांत
आपल्याकूच ओखेत.

३
अस्तंतेच्या किर्णांत
गाड निळ्यो जायत वचपी
दोंगरांच्यो कडो
रुखारुखावळींनी
भित्र्यांचो किलबिलाट
तुळशी मुखार पेटिल्लीं निरांजनां
ओंठार स्फुरिल्ल्यो प्रार्थना
खोल भितर तळा
वस्त्रगाळ जाल्लें मन
आनी
चडत वता कुसाकुसान रात
निळी सिंम्फनी कशी.

ताळगांव
१० ऑक्टोबर ०२

त्रिपदी

१
चंद्रीम लकलो
माथ्या वयलो बिंदलो
काळखांत रकलो.

२
काळखाच्या चौकोनांत
पोसो भरून व्हांवपी
एक वताची तिरपी.

३
किर्णांची मेटण
काळखाच्या वस्त्राक
मनाची उतराक.

ताळगांव
१९ नोव्हेंबर ०२

दिवे

रुजवणाक राती
हालता सावळे पान
दीस गेल्ली माती
बिण्ण काळखा रान.

कदीम काळाचे उले
भितर सादता कोण
सगलें गुपाट तरी
पयस दिवे मिणमीण...

ताळगांव
१९ नोव्हेंबर ०२
कार्तिक पुनव

कविता आसता

कविता आसता
पिकिल्ल्या शेतांची
दर्याच्या गितांची
सवण्यांच्या उडपाची
रानांच्या झडपाची.

कविता आसता
सपनाच्या पाराची
दिठयेच्या दाराची
आयिल्ल्या गेल्ल्यांची
आपल्या पेल्यांची.

कविता आसता
तुजे म्हजे भेटेची
आनी ताटातुटीची
निरोपाच्या शिणांची
स्वासांच्या रिणांची

कविता आसता
मोगरेच्या वासाची
चांफ्याच्या ध्यासाची
सुरांचे भक्तीची
शब्दांचे शक्तीची

कविता आसता
फकत कवितेची...

पणजी / २१ नोव्हेंबर ०२

सांजवेळ

सांजवेळ
व्याकूळ
कोमल ऋषभाची

सांजवेळ
गोकूळ
गोरवांचे घांटींची

सांजवेळ
फुटिल्ली
काळजा कळ्यांत

सांजवेळ
मिटिल्ली
दिकांच्या दोळ्यांत...

पणजी
२५ ऑक्टोबर ०२

वारो

ल्हारेता
तळ्याच्या पाणयार
वाऱ्याची कुरू

झंकारता
पानापानांनी
वाऱ्याची सतार

वारो असीम
हुपून आपलीच शीम...

पणजी
२५ ऑक्टोबर ०२

सपन

गच्च रुखावळीचें
पांचवें तोपरें घाल्लो
माणकुलोसो दोंगर
म्हज्या सपनांत येता.

दाट धुक्याचो पदर
माथ्यार घेतिल्ली
तरणी नार कशी न्हंय
म्हज्या सपनांत व्हांवता.

मानीच्या बेटाबेटांनी
हुंदडपी अवजाळी
कृष्ण कसो वारो
म्हज्या सपनांत खेळटा

तुज्या गांवांतल्या
आडवाटांनी शेणिल्लो
तुज्या मुखा वरी चंद्र
म्हज्या सपनांत मेळटा...

पणजी
४ डिसेंबर ०२

गात्रां

आंब्या आड उबो
निकतो उदेल्लो चंद्र
येता झंकारून
म्हजें रंद्रांन रंद्र

मोराचीं पांखां कशीं
फुलिल्लीं रंद्रां
रंगली बोटांचेर मेथी
उमळ्ळीं गात्रां...

ताळगांव
२२ ऑक्टोबर ०२

कोणें तरी

कोणें तरी
ह्या वाऱ्याक सांगूंक जाय
आडांगी जावं नाका म्हणून
तूं लागीं आसतना.

कोणें तरी
हे वाटेक सांगूंक जाय
अशी ल्हान जावं नाका म्हणून
तुजो हात हातांत आसतना.

कोणें तरी
ह्या काळाक सांगूंक जाय
बेगी...बेगीन सरूं नाका म्हणून
तूं येता तेन्ना...

ताळगांव
२७ डिसेंबर ०२

म्हजी कविता

खांदयेर बसून
एकसुरें
कोगूळ गायता
तशी मनांत
म्हजी कविता.

पांचव्या दोंगरांचें
पयस मेरेन
फुटिल्लें ल्हार
मनांत उकतें म्हज्या
कवितेचें दार.

सवण्यांचें उडप
कळ्यांचें फुलप
ल्हारांचें हांसप
आसता
म्हजी कविता...

२२ जानेवारी ०३

समेर येवप तसो

समेर येवप तसो
चंद्र पावता माथ्यार
झणझणटा वाऱ्याची
पानापानांनी तार.

हुपता म्हजें मन
कितल्यो दिको पार
येता नदरेंत आनी
उजवाडाचे हुंवार.

गोठेल्ली शांतताय
मंद्र सप्तकांत सूर
आळयलो तरी कशी
लागना हाताक खर...

पणजी
२४ जानेवारी ०३

रेंब्रां : न्हाणा उपरांत

पिकिल्लीं द्राक्षां
तुजे सपनेल्ले दोळे
दुवादशीचो चंद्र
तुजो गोरो खांद.

रेंब्रांच्या चित्रांतल्यान
उठून आयिल्ली
तूं तृप्त
न्हाणा उपरांत
तुज्या
नसानसांतल्यान
फांकिल्ली
चान्ह्याची कांत
घेतां हांव
मन भरून...

पणजी
२५ जानेवारी ०३

न्हंय

व्हांवता न्हंय
बांसरेच्या
मंजूळ सुरां भशेन
सोदीत
कवितेचे कांठ
आषाढांतले तुडुंब
भरिल्ले घांट
अटंग रानांतली
एकोडी
नागमोडी वाट.

व्हांवता न्हंय
एखाद्रे
अद्दश्य रेशे भशेन
रेखीत
दोंगर गाळी
घालीत
अज्ञाताक वळशे
रावत
अखंड व्हांवत
आपल्या गांवाक पावत.

व्हांवत न्हंय
वता दर्याक मेळत
जशी तूं
रावता म्हाका कळत...

ताळगांव
२९ जानेवारी ०३

उटकमंड

१
दोंगराचीं ल्हारां
निळ्या धुक्यांत बुडिल्लीं
नदर म्हजी अडिल्ली

२
दोंगुल्लयांक
वेंगावन बशिल्लीं
हीं माणकुलींच घरां
पांखां फुटून
उडत काय?

३
जंय वता थंय
फुट्टा नदरेक
दोंगरांची धार

उटकमंड
६ जून ०३

केळीचें पान

१
केळीचें पान
करता वस्त्रगाळ
पांचवें मन...

२
अदृश्य उर्वशीचो
पदर कशें
शिरशिरता केळीचें पान

३
केळीचें पान
मनाक फुटिल्ली
पांचवी तान...

ताळगांव
२८ जानेवारी ०३

तूं

तूं
म्हऱ्यांत,
मनांत
स्पर्श सुखाक ओतो
रमारमांत हातो...

ताळगांव
१० मार्च ०४

सपन

थेंब्यान थेंब
जालें तळें
तातूंत तुजे
मळब दोळे.

वाऱ्याक आनी
फुटलें मन
जालें हांवूंच
एक सपन...

पणजी
३ एप्रील १९७१



जल्म ४ जून १९५४

फाटलीं चार दसकां कविता बरयता. 'चंवर' (१९६९), 'वताच्यो सावळ्यो' (१९७२), 'उजवाडाचो रूख' (१९७५), 'पर्जळाचे दार' (१९८६), 'यमन' (१९९९) आनी 'अव्यक्ताचीं गाणीं' (२००२) हे कविता संग्रह उजवाडा आयल्यात. ते भायर दोन अणकाराचीं पुस्तकां प्रसिद्ध जाल्यांत. 'यमन' ह्या कविता संग्रहाक आनी रविन्द्रनाथ टागोरांच्या कवितांच्या अणकारा खातीर साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार प्राप्त जाल्यात.